## Akashvani Panaji National news 8.40 am 14 March

---

केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी संवसारीक ऑडियो-व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर संमेलन वेव्स चो एक भाग म्हूण निर्मात्याच्या अर्थवेवस्थे खातीर 1 अब्ज डॉलर निधी जाहीर केल्या . काल नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या WAVES 2025 विशींच्या उच्च पांवड्यावेल्या अधिवेशनांत मंत्री वैष्णव उलयताले. म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या ह्या अधिवेशनांत WAVES 2025 पयलीं आंतरराष्ट्रीय समुदायाक गुंतवपाचो यत्न केल्लो.मुंबयच्या गोरेगांवांतल्या फिल्म सिटी लागसार पयली भारतीय सृजनशील तंत्रज्ञान संस्था स्थापन जातली अशी म्हायती मंत्री वैष्णव हाणी दिली.मिडिया आनी मनरिजवण उद्देगा खातीर चर्चा, सहकार्य, आनी नवनिर्माण वाडोवपा खातीर वेव्स एक मुखेल माची म्हूण काम करतले अशें विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी सांगलें. संद सोदून काडपाक, आव्हानांक तोंड दिवपाक आनी ह्या क्षेत्राचो फुडार घडोवपाक उद्देग फुडारी, भागधारक आनी नवनिर्माण करप्यांक एकठांय हाडटले हाचेर तांणी भर दिलो .

---

नितळ उर्जा आनी शाश्वत शारी वाड करपा खातीर राज्याच्या वचनबद्धतेचो एक भाग म्हूण राज्यांतल्या सगळ्या पालिका म्हामंडळांचें रुपांतर सौर शारांनी करतले अशें उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी जाहीर केलां. काल गोरखपूरांत जाल्ल्या राष्ट्रीय नितळ हवेच्या कार्यावळीचेर तीन दिसांच्या कार्यशाळेच्या आनी राष्ट्रीय परिशदेच्या निमण्या अधिवेशनांत ताणी ही घोशणा केली . उत्तर प्रदेशांत 22 हजार मेगा वॅट निवळ उर्जा तयार करपाचो लक्ष्य आसा अशें मुखेलमंत्री आदित्यनाथ हांणी स्पश्ट केलें. तांणी फुडें सांगलें की, अयोध्या पयलींच राज्यांतलें पयलें सौर शार जालां, तातूंत 6 हजार मेगा वॅट नवीकरणीय उर्जा तयार जाता. तेच प्रमाण बुंदेलखंडांतय 5 हजार मेगा वॅट क्षमताय आशिल्लो पाचवी उर्जा मार्ग तयार केला अशें तांणी मुखार सांगलें.2070 मेरेन भारताचें निव्वळ शून्य उत्सर्जनाचें ध्येय साध्य करपा खातीर राष्ट्रीय ते थळाव्या मेरेन सगळ्या पांवड्यावेल्यान सामुहीक यत्न करचे पडटले अशें मुखेलमंत्रीयनी फुडें

सांगलें. पर्यावरण संवर्धनांत लोकांचो वांटो घेवप गरजेचो हाचेर तांणी भर दिलो. लोकांचो सहभाग नासतना खंयचीच चळवळ येसस्वी जावंक शकना अशें तांणी सांगलें.

---

होळी हो रंगांचो पारंपरिक सण आयज पुराय देशभर पारंपारीक तरेन व्हडा उमेदीन आनी खोशेन मनयतात. हो उत्सव वसंत ऋतूचो आगमन, वायटाचेर बऱ्याच्या जैताचें प्रतीक आनी एकचाराची भावनेक पोसवण दिता . जाती, पंथ, पिराय आनी लिंग हांच्या आडमेळ्यां हुंपून लोकांक एकठांय हाडून समता आनी भावपण ह्या उतसावंत दिसून येता . होलीच्या एक दीस आदीं मनयल्ल्या होलिका दहानांतल्यान उत्सवाची सुरवात जाली. राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हाणी होळीच्या निमतान नागरिकांक परबी भेटयल्यात . हो उत्सव सुख आनी उमेद हाडटा अशें ताणी आपल्या संदेशांत सांगलां. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखरान हणीय राष्ट्राक परबीं दिल्यांत. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय होळीच्या निमतान लोकांकय शुभेच्छा दिली. खोशी आनी खोशीन भरिल्लो हो उत्सव, देशांतल्या लोकां मदल्या एकचाराचे रंग घटमूट करतना सगळ्यांच्या जिवितांत नवी उमेद आनी उर्जा हाडटलो अशें तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत उक्तायलें.

---

छत्तीसगडाच्या बीजापूर जिल्हयांत सतरा नक्सलवंध्यानी आत्मसमर्पण केले . काल बीजापूरांतल्या वरिश्ठ पुलीस आनी केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या अधिकाऱ्यां मुखार एका जोडयेन आत्मसमर्पण केले . बीजापूरचे वरिश्ठ पुलीस अधीक्षक जितेंद्र कुमार यादव हांणी सांगलें, आत्मसमर्पण केलल्यान नक्सलवाद्यानी पोकळ आनी अमानवीय माओवादी विचारसरणीचेर निराशा, वरिश्ठ कार्यकर्त्यांनी निरपराध्यानी केलल्या आदिवासींचो शोशण आनी सुरक्षा दळांचो वाडट्या प्रभावाचो उल्लेख केला.

---

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज सांजवेळा तीन दिसांच्या भेटी खातीर आसामांत पावतले, ह्या वेळार ते जायत्या कार्यावळींक हाजीर रावपाचे आसात. ते जोरहाट

विमानतळा सावन गोलाघाटाक वतले आनी रातच्या वेळार डेरगांवच्या लचित बार्फुकन पुलीस अकादेमींत रावतले . फाल्यां सकाळीं, मंत्री शाह मिझोरामाक वचचे पयलीं अत्याधुनीक पुलीस अकादेमीचें उक्तावण करतले . दनपारां 2 वरांचेर आसाम रायफल्स आस्थापनां ज़ोखावसांगांत स्थलांतरीत करपा खातीर आयझोलांत जावपी कार्यावळीक ते हाजीर आसतले . उपरांत ते परतून गुवाहाटीत येतले .आयतारा कोकराझार जिल्ह्यांतल्या दोतमा हांगा ऑल बोडो विद्यार्थी संघटनेचे सत्तवानव्या वर्सुकी परिशदेंत घर मंत्री मार्गदर्शन करतले. ते उपरांत नवी दिल्लीक परत येवचे पयलीं ह्या वाठारांतल्या मुख्यमंत्र्यां वांगडा गुवाहाटींतल्या ईशान्य राज्यां खातीर नव्या गुन्यांवकारी कायद्याचो नियाळ घेतले .

---

तेलंगणात आमदारांच्या कोटा खाला विधीमंडळाचे वांगडी म्हणून वेगवेगळ्या राजकी पक्षांनी उमेदवार केल्ले पांच उमेदवार काल उमेदवारी फाटीं घेवपाच्या निमाण्या दिसा एकमतान वेंचून आयले. रिटर्निंग ऑफिसर, उपेंदर हांणी पांचूय उमेदवारांक वेंचून आयिल्ले अशें जाहीर करून तांकां अधिकृतताय प्रमाणपत्रां दिल्यांत.आदलयो खासदार आनी फिल्म अभिनेत्री विजयशांती, अड्डंकी दयाकर आनी शंकर नायक हयो सत्ताधारी काँग्रेस पक्षांतल्यान वेंचून आयलयो जाल्यार भाज पाचे एन सत्यम काँग्रेसीच्या आदारान वेंचून आयले. विरोधी पक्षाचे बीआरएस उमेदवार दासोजू श्रावणूय वेंचून आयले.

---

---

---

केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांत (एनईपी) संविधानाच्या आठव्या वळेरी मान्यताय मेळिल्ल्या राज्यांच्या आवयभासांक आनी भासांक चालना दिवपाची तरतूद आसा अशें सांगलें. काल रातीं पुडुचेरींत पद्मश्री पुरस्कृत आनी थाविल मास्टरो Datchanamoorthy हांच्या सत्कार सुवळ्यांत उलयतना मंत्रीमंडळान आठवी वळेरी नोंद जाल्ली शास्त्रीय भास म्हूण तमिळ भाशेक प्रोत्साहन दितले आनी एनईपी खाला फावो तें म्हत्व दितले हाचेर भर दिलो. हेर भासांचोय वेळापत्रकांत आस्पाव केला अशें मंत्रीमंडळान सांगले.पुडुचेरी राज्यात अनुसुचीत जातीनी चळवळीन आयोजीत केल्ल्या

कार्यावळींत मंत्री मेघवाल हाणी Datchanamoorthyनचो भोवमान केलो. ह्या संदर्भार पुडुचेरी विधानसभा अध्यक्ष आर सेलवम, घरमंत्री ए नमस्सिवायम, आदि द्रविदार कल्याण मंत्री साई जे सरवणकुमार, भाजपाचे आमदार, आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.हाचे आदीं मंत्री मेघवाल हांणी पुडुचेरी विधानसभा अध्यक्षा कडेन बसका घेतली आनी केंद्रीय प्रदेशांतल्या भाजपाचे मंत्री आनी आमदार हांचे कडेन चर्चा केली.

---

दिल्ली प्रदुशणापसून मुक्त करपाच्या हेतान काल मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हाणी निवळ, पाचवें आनी भलायकेन भरिल्ल्या शाराची येवजण आंखली. मुखेलमंत्रीयांचा अध्यक्षपदाचेर राष्ट्रीय राजधानी निवळ आनी प्रदुशणमुक्त करपाच्या पांवड्यार चर्चा करपा खातीर बसकेंत पर्यावरण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसा आनी पर्यावरण आनी भौशीक बांदकाम खातें, दिल्ली पुलीस, हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोग, दिल्ली उदरगत प्राधिकरण, आनी नागरी संस्थांचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. हे बसकेंत मुख्यमंत्र्यानी खात्यांक आनी प्रदुशण-नियंत्रणाच्या यत्नांक गती दिवपाचे निर्देश दिले. एका निवेदना प्रमाण, धुल्ल प्रदुशणा आड झुजपा खातीर वर्सभर -- पावस सोडल्यार -- स्प्रिंकलर आनी स्मॉग बंदूक वापरतले अशें मुख्यमंत्र्यानी जाहीर केलां. वाहनांच्या उत्सर्जनाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर दिल्लीच्या शिमेचेर अंमलबजावणी पंगडांचो आंकडो वाडोवपाचोय निर्देश दिला. प्रदुशणाक मुखेल योगदान दिवपी लोकांचो आस्पाव ह्या पुनर्विलोकनांत केल्लो, खंयच्याय उल्लंघना उपरांत खर देखरेख आनी बेगीन कारवाय जातली हाचेर मुख्यमंत्र्यानी भर दिलो. खात्यां मदीं समन्वयात्मक यत्न सुनिश्चीत करपा खातीर एका सप्तका भितर कृती आराखडो सादर करपाचो निर्देश ताणी अधिकाऱ्यांक दिलो.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद, आनी अरुणाचल प्रदेशात एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .